# आयटीजीची 'ओमॅगा' व्हॅब एप्लिकेशनाची निर्मिती

**पणजी,21 एप्रिल 2020**

गोंय सरकाराच्याउपक्रमा अंतर्गत,इन्फॉ टॅक कॉर्पोरेशन ऑफ गोवा लिमिटेड (आयटीजी), माहिती आणि तंत्रज्ञान संचालनालय आनी मडगांव हांगा सरल्या इमेजिन वर्क्स हांच्या सहयोगान **'ओमॅगा'**ह्या वॅब एप्लिकेशनाची यशस्वीरितीन निर्मिती केल्ली आसा. क्रेंद्रीय सरकाराच्या गृह मंत्रालयान जारी केल्लें मार्गदर्शक तत्वांची प्रभावी अंमलबजावणी आनी देखरेख करपा खातीर सदर वॅब तयार केला.

ह्या वॅब एप्लिकेशनाचो उपेग गोंय राज्याच्या सगळया प्रमुख शीमेंचेर आशिल्ल्या चेक पोस्टांचेरवाहनांचें आंतर-राज्य वाहतुकेचे परिक्षणा खातीर करतले. ह्ये शीमेचेर आशिल्ल्या चेक पोस्टांचेर वाहनांच्या येवप-वचप हांचेर लक्ष दवरतलें.तशेंचऐच्छिक वाहन, प्रवासी, चालक, वाहनात प्रवास करपी ऑपरेटरआनी हेर कसल्योय समस्या आसल्यार तांचो रिपोर्ट उपलब्ध करून दिवपा खातीर सेलुल्यर नेटवर्क आनी वॅब आधारित सॉफ्टवॅर वापरून वाहनांच्या वेवस्थापनाचे परिक्षण करतले.

लोकांच्या बेकायदेशीर आनी अनाधिकृत वेव्हारांक ट्रॅक करप हें ह्या वॅबाचे महत्त्वाचे वैशिश्ट आसा. प्राप्त जाल्ले रिपोर्ट संबंदीत प्रधिकाऱ्याकडेन दिवन वाहन, चालक, हेल्पर, प्रवासी आदींच्या संदर्भान योग्य तो निर्णय घेवपाक मजत करतलें.

हो सॉफ्टवॅर पत्रादेवी, दोडामार्ग, केरी, मोलें आनी पोळें ह्या गोंयच्या 5 सीमा चेक पोस्टांचेर ह्या पयलीच कार्यरत आसा.
कोव्हीड-19 महामारीक धैर्यान तोंड दिवपा खातीरगोंय सरकाराच्या उपक्रमा अंतर्गत येवपी आयटीजी आनीतांच्या कर्मचाऱ्यांनी आपली सामाजीक बांधिलकी जपून गोंय राज्याखातीर ही नि:शुल्क सेवा प्रदान केल्ली आसा.

DI/NB/PN/SAG/2020/1892

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA